Panaji Regional 15th September 2026 7.25am

160

देड दिसांच्या गणपतीचे आयज विसर्जन जातले, राज्यातल्या चडश्या गणपतीचे विसर्जन देड दिसांनी करतात. गोंयभर जाग्यां जाग्यांचेर गणपती विसर्जनाच्यो सुवातो निवळ करून विसर्जनाक गरज ती तयारी करून सज्ज आसात. चडश्या वाठारांनी तळ्यो तळी वा न्हयांनी गणपतीचे विसर्जन करतात.

कांय वाड्यांचेर तिसाल आसता. म्हळ्यार दर तिसरे वर्सा गणपती पांच वा सात दिस दवरतात. चवथ हो गोयांतलो मुखेल उत्सव. कामा निमतान घरा भायर आशिल्ले गौयकार ह्या निमतान गांवघरा येतात. शारांतल्यान लोक गांवघरा वतात देखून शारांत पुलीसांनी बंदोबस्त वाडयला आनी रातीची गस्त पाळत कडक केल्या. हे खेपे चवथीच्या सामानाचे बाजार वाडिल्ल्यान लोकांक सगलें सामान एकेच सुवातेर घेवप बऱ्याक पडलें.

हालींसराक गोयात सार्वजनिक गणपती उत्सव वाडल्यात. तातूंत तरेकवार कार्यावळी सर्ती किर्तना व्याख्यानां हांचो आसपाव जाता.

मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी आपल्या गांवघरा कोठंबी गांवात गणेशाची पूजा केली. ताणी गोंयकारांक चवथीचीं परबीं दिलीं. आपल्या एका सोशल मिडीया पोस्टांत मुखेलमंत्र्यांनी वेळगेच्या श्रीमती हायस्कूलान तयार केल्या पर्यावरणस्नेही गणेश प्रतिमेची तोखणाय केल्या. श्रीमती हायस्कूलान पद्मीनी फावंडेशनाच्या पालवान कड्डणांच्या आदारान तयार केल्ल्या ह्या प्रतिमा प्रकल्पाचें फुडारपण  कला शिक्षक योगेश कवठणकार हाणी केलें. ताणी सांगलें..... Byte

100

गोंयातल्या अन्नपदार्थ कर्मचाऱ्यांचेर सरकारी देखरेख वाडटली. प्रशासन ह्या कर्मचाऱ्यांची भलायकी स्थिती, पोलीस पारखणी हे खातीर एक व्यापक मोहिमेची तयारी करता. ही मोहीम रोखडीच सुरू जावपाची आसा. नेटान विस्तारपी ह्या मळाचेर सरकारान अधिक नियंत्रण दवरपाचें थारायालां.

बसका जाली तातूंत येरादारी विभागान फुडाकार घेवपाचो आनी पोलीस तशेंच भलायकी विभागाच्या अधिकाऱ्यांक तातूंत वांटेकार करून घेवपाचो निर्णय जालो.

फूड डिलिव्हरी कर्मचारी संसर्गजन्य रोगां पसून मुक्त आशिल्ल्याची खात्री भलायकी तपासणी यंत्रणा करतली.

डिलिव्हरी कर्मचारी वापरतात त्या गोंया भायर नोंदणी केल्ल्या दुचाकींचो आंकडो ल्हान ना. येरादारी विभाग ह्या वाहनांच्या नोंदणीचो तपशील, तीं कितल्या तेंपा सावन गोंयांत आसात, तांचो वापर कसो कित्या खातीर करतात आनी चालकां कडलीं कागदपत्रां हांची तपासणी करपाची शक्यता आसा.

50

गोंय कोयर व्यवस्थापन महामंडळान फाटल्या तीन आर्थिक वर्सांनी सरकाराचीं 838 पोरनीं आनी वापरूंक मेळनात अशीं वाहनां पावणी करून विकल्यांत. या पावणेतल्यान राज्याच्या तिजोरेंत 4.69 कोटी रुपयांचो महसूल जमा जाला.

सरकारान दिल्ले म्हायतीप्रमाण, महामंडळान २०२३-२४ या वर्सा 121 वाहनां, २०२४-२५ वर्सा 61 वाहनां आनी २०२५-२६ वर्सा 656 वाहनां पावणी करून विकलीं.

50

आंतरराष्ट्रीय चार्टर विमान सेवांचो हंगाम अनू बेगीन सुरू जावपाची शक्यता आसा. रशियांतल्यान पयली विमानसेवा ह्या म्हैन्याचे अखेर मेरेन येवपाची शक्यता उकतायतात. युके सावन चार्टर विमानां नोव्हेंबरात सुरू जातलीं ; आठवड्याक चार विमानां आसूं येता. गेल्या वर्साच्या ह्याच काळांतले तुळेन तें प्रमाण सुमारे 7 टक्क्यांनी अधिक आसपाचो अदमास  उकतायतात.

Cricket – 40

भारत आनी अफगाणिस्तान हांचे मदीं तीन मॅचींची टी-20 आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मालिकेची दुसरी मॅच आज दिल्लीत अरुण जेटली स्टेडियमांत जातली. मॅच सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली. ह्या माळेंत भारतान 1-0 अशी आघाडी घेतल्या. तिसरी आनी निमाणी मॅच बिरेस्तारा ह्याच स्टेडियमाचेर जातली.

Weather – 60

गोंयांत आज हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. आज राज्यांत चडांत चड तापमान 32-33 degrees सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 25-26 degrees सेल्सियस मदी उरपाची शक्यताय आसा.